**म्हायती खात्यावतीन 25 सप्टेंबराक आजादी की सूनहरी यादें कार्यक्रम**

ता. 23 सप्टेंबर 2021

भारत सरकाराच्या आजादी का अमृत महोत्सव कार्यक्रमा अंतर्गत गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन "आजादी की सूनहरी यादें" ह्या संगीत कार्यक्रमाचे आयोजन केला.

शेनवार ता. 25 सप्टेंबर 2021 दिसा सांजेच्या 6.30 वरांसावन देशभक्ती गीतांचो आस्पाव आशिल्लो गीतसंगीताचो कार्यक्रम खात्याच्या @IPGOA ह्या फेसबुक पेजीचेर पळोवक मेळटलो. तशेंच उपरांत हेर समाज माध्यमावयल्यान हो कार्यक्रम लोकांक पळोवपाक मेळटलो.

काराओके पद्दतीन सादर जावपी ह्या कार्यक्रमात गायक कलाकार महेश पाटणकर, सर्वेश फडके, मंगेश कोटणीस, स्नेहल गुरव कारखानीस आनी संगीता नाईक देशभक्ती गीतां सादर करतले.म्हायती खात्याचे पालवी म्हायती अधिकारी श्याम गांवकर निवेदन करतले.

ह्या गीतसंगीताच्या कार्यक्रमात लोकांनी मोठ्या संख्येन सहभागी जावपाचो उलो म्हायती खात्याचे संचालक श्री. दिपक बांदेकार हांणी मारला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/793

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji